Panaji National

26 June 2026 6.30PM

## PM Modi on Nasha Mukt Bharat

'नशा मुक्त भारत मोहीम' आतां लोकांच्या सहभागान चलपी लोकचळवळ जाल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. विकसीत भारत घडोवपाखातीर सगल्यांनी खातीर एकठांय येवन 'नशा मुक्त भारत' उभो करचो अशें आवाहन तांणी केलें. हो संकल्प 'विकसीत भारत' तयार करपाक एक घट बुन्याद म्हूण काम करतलो असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

## Man ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा 28 जूनाक ऑल इंडिया रेडिओचेर 'मन की बात' कार्यावळी वरवीं भारतांतल्या आनी परदेशांतल्या लोकांकडेन आपले विचार मांडटलें. म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 135वो भाग आसतलो.

## Amit Shah on drug

घुंवळे वखदांक लागून राश्ट्रीय सुरक्षा, समाजीक स्थिरताय, अर्थीक हितसंबंद आनी देशांतल्या तरणाट्यांच्या फुडाराक धोको निर्माण जाता अशें सांगून केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी घुंवळे वखदाआड एकवटीत झुज दिवपाचो उलो मारला. हे बद्दल उलयताना तांणी सांगलें

देशांत घुंवळे वखदां आनी तांच्या वेपारी जाळयाआड लढो दिवपाखातीर समन्वय आनी तंत्रगिन्यानाचो वापर गरजेचो आसा हाचेर केंद्रीय घरमंत्र्यांनी भर दिलो आनी म्हटलें

## Passport New price

केंद्र सरकारान पासपोर्टाक अर्ज करपाची फी वाडयल्या. हो नेम 1 जुलय सावन लागू जावपाचो आसा. परराश्ट्र मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण सुदारीत शुल्काखाला 'तटकळ' येवजणे वरवीं नवो पासपोर्ट जारी करपा खातीर वा पासपोर्टाचें नुतनीकरण करपा खातीर 5 हजार रुपया शुल्क आकारतले. जाल्यार 60 पानांचो पासपोर्ट वा ताचें नूतनीकरण करपा खातीर 3,500 रुपया शुल्क थारायलां, 'तटकल' येवजणे खाला हाचो खर्च 6 हजार जातलो. नवीन नेमाप्रमाण, 36 पानांचो पासपोर्ट वायट वा इबाडलो जाल्यार ताचे सुवातेर नवो पासपोर्ट जारी करपा खातीर 5 हजार रुपया, जाल्यार 60 पानांचो पासपोर्टाखातीर 6 हजार रुपया शुल्क आकारतले.

## Ayodhya Theft

श्री राम जन्मभूमि तीर्थ क्षेत्र देणगी प्रकरणांत उत्तर प्रदेश सरकारान खर पावलां उबारून 8 आरोपी आनी हेर अज्ञात व्यक्तीं आड पयली एफआयआर नोंद केल्या. मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांच्या निर्देशा प्रमाण तयार जाल्ल्या खाशेल्या तपास पंगडाच्या सुचोवणे ही उपरांत एफआयआर दाखल केल्या. कांय दिसांपायली, श्री राम जन्मभूमि तीर्थ क्षेत्र ट्रस्टाक मेळिल्ल्या देणगी आनी अर्पणांची चोरयेची गजाल उजवाडाक आयली, आनी ट्रस्टान खाशेली चवकशी करची अशी मागणी केल्ली, ते उपरांत उत्तरप्रदेशचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी खाशेलो तपास पंगड तयार करपाचे निर्देश दिल्ले.

## Venezuela

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी 'ऑपरेशन अमिस्ताद'ची घोषणा केली. हे उपरांत भारतीय वायुसेनेचीं दोन सी-17 विमानां भूंयकांपा उपरांत मजत दिवपाखातीर व्हॅनेझुएलाच्या दिकेन भायर सरल्यांत. ह्या कठीण काळांत व्हॅनेझुएलाच्या सरकाराक आनी लोकांक आदार दिवपाक भारत कटिबद्ध आसा अशें सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून डॉ.जयशंकर हांणी सांगलें.

## Weather

भारतीय हवामान खात्यान उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, दर्यादिगेवेलो आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच फुडल्या दोन ते तीन दिसांत दिल्ली, झारखंड, ओडिशा, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, अस्तंत बंगाल, उत्तराखंड, विदर्भा आनी अस्तंत राजस्थानांत वीज आनी वादळी वाऱ्यासयत गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

## Sports

फिफा विश्वचषकांत आयज सकाळीं न्यू जर्सी स्टेडियमाचेर जाल्ले मॅचींत जर्मनीचेर 2-1 अशी जैत मेळोवन इक्वेडोर फिफा विश्वचषकाच्या नकआउट पांवड्यार पावला, जाल्यार आयज रातीं नॉर्वे फ्रांसा आड आनी इराक सेनेगल संघा आड खेळटलो. दोनूय खेळ मध्यान रातीं 12:30 वरांचेर सुरू जातले. इतले मजगती काल रातीं इंग्लंडांतल्या मॅनचेस्टरांत जाल्ल्या बायलांच्या टी-20 विश्वचषकांत भारतान बांगलादेशाक पांच विकेटींनी हारयलो.